आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरो

24 सप्टेंबर 2026, 7.20 वरां

<u>मुखेल खबरो</u>

- गोंय भाजपाचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक हांणी आयज भाजपाचे राष्ट्रीय सरचिटणीस बी.एल. संतोष हांची तांच्या नवी दिल्लींतल्या राबितो घरांत भेट घेतली.
- भाजपाचे राष्ट्रीय सह-संघटन महासचिव शिवप्रकाश हांची गोंय भाजपाच्या संघटन कामकाजा खातीर प्रभारी म्हणून नेमणूक जाल्या.
- १६ वर्सां सकयल्या भुरग्यांचो सोशल मिडिया वापर मर्यादीत करपाच्या गोंय सरकारच्या प्रस्तावाचो विशय केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रगिज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांचे कडेन दिल्ली भेटी वेळार मांडतलो अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी आयज दील्या.
- युनायटेड फोरम ऑफ बँक युनियन्सच्या वतीन बँक कर्मचाऱ्यांच्यो वेगवेगळयो मागण्यो घेवन आयज पणजेच्या आझाद मैदानाचेर धरणें आंदोलन जालें. मजगतीं ह्या आयतारा बँकांचे कामकाज सुरू आसतलें अशें युनियनान कळीत केलां.

गोंय भाजपाचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नायक हांणी आयज भाजपाचे राष्ट्रीय सरचिटणीस बी.एल. संतोष हांची तांच्या नवी दिल्लींतल्या राबितो घरांत भेट घेतली.

हे बसकेंत दोनूय फुडाऱ्यांनी भाजपा गोंय संबंदीत वेगवेगळया संघटनात्मक गजालींचेर सविस्तर चर्चा केली. नायक हांणी बसके विशीं म्हायती दितनां राज्यांतल्या पक्ष संबंदीत संघटनात्मक प्रश्नांचेर चर्चा केल्ल्याचें सांगलें.

2027 वर्सा गोंय विधानसभा वेंचणुकेच्या फांटभुंयेर भाजपा आपली संघटनात्मक कार्यावळ आनी तयारी चालू आसतनां ही बसका जाल्या.

भाजपाचे राष्ट्रीय सह-संघटन महासचिव शिवप्रकाश हांची गोंय भाजपाच्या संघटन कामकाजा खातीर प्रभारी म्हणून नेमणूक जाल्या. भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी ह्या नेमणुकेची अधिसूचोवणी जारी केल्या.

इतले मजगती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी शिवप्रकाश हांची नेमणुक जाल्या उपरांत ह्या नव्या जबाबदारे खातीर शिवप्रकाश हांका येवकार आनी परबीं भेटयलीं. आंध्र प्रदेश, छत्तीसगड, महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश आनी गोंय़ ह्या राज्यांच्या संघटन कामकाजाची जबाबदारी शिवप्रकाश हांचेर सोपयल्या अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यांनीं दील्या.

१६ वर्सां सकयल्या भुरग्यांचो सोशल मिडिया वापर मर्यादीत करपाच्या गोंय सरकारच्या प्रस्तावाचो विशय केंद्रीय इलेक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रगिज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांचे कडेन दिल्ली भेटी वेळार मांडतलो अशी म्हायती पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी आयज दील्या.

भुरग्यांनी सोशल मिडियाचेर चड वेळ घालोवचे परस शिक्षण आनी फुडारांतल्या करिअर विकासाचेर लक्ष केंद्रीत करपाक जाय, अशें मंत्री खंवटे हांणी सांगलें. तशेंच, भुरग्यांच्या शिक्षणाक, कुशळताय उदरगतीक आनी फुडारांत येवपी संदींक उपेगी पडपी डिजिटल प्लॅटफॉर्मांचो वापर करपाक प्रोत्साहन दिवपाचें मत खंवटे हांणीं व्यक्त केलें. हे विशीं उलयतनां मंत्री रोहन खंवटे हांणीं म्हळें.

26 सप्टेंबर 2026 दिसा सर्गेस्त टी.बी. कुन्हा हांची पुण्यतिथ पाळटले. सकाळच्या 10.00 वरांचेर पणजेच्या आझाद मैदानाचेर जावपी कार्यावळींत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत सर्गेस्त टी.बी. कुन्हा हांच्या स्मारकाचेर पुष्पचक्र ओपतलें. तशेंच हेर मानेस्तंय स्मारकाचेर पुष्पांजली ओंपतले. पुलीस पंगड ह्या वेळार मानवंदना दितले.

शाळांतल्या भुरग्यांच्या येरादारी वेवस्थापनात सुरक्षीतताय आणी नियंत्रण हाडपाच्या उद्देशान सगळ्या शाळांनी 'भुरग्यांची येरादारी समिती' स्थापन करची आनी ती नेमान कार्यान्वित दवरची अशे शिक्षण खात्यान मागलां.

राज्यांतल्या सगळ्या शाळांनी ही सुचोवणी बेगोबेग अंमलात हाडची अशें शिक्षण खात्यान कळीत केलां.

ह्या परीपत्रका प्रमाण शाळांनी दर तीन म्हयन्यांनी येरादारी पुलिसांच्या सहभागान CTC ची बसका घेवप सक्तीचे आसा. ह्या बसकांनी भुरग्यांची येरादारी, बस वेवस्था, बस थांब्यांचे विशय आनी रस्तो सुरक्षेकडेन संबंदीत हेर म्हत्वाच्या मुद्द्यांचेर सविस्तर चर्चा करची पडटली.

कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स खात्यान कांय दिकाभूल करपी वृत्तपत्रांतल्यो बातम्यों आनी दुबावा विशीं खुलासो केला.

कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स टर्मिनल बिल्डिंग वा जेट्टींचे "खाजगीकरण" करपाचो कसलोच प्रस्ताव ना. ही निविदा ऑपरेशन आनी देखभाल, कांय सुविधांचे वेवसायिक ऑपरेशन, देखभाल आनी वेवस्थापनाच्या वेवस्थेखातीर आसा. ह्या निविदे वरवीं टर्मिनल बिल्डिंग वा सरकारी मालकीच्या जेट्टी मालमत्तेची मालकी खाजगी ऑपरेटराकडे दिवपाचो प्रस्ताव ना, अशें स्पश्टीकरण कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स खात्यान केला.

युनायटेड फोरम ऑफ बँक युनियन्सच्या वतीन बँक कर्मचाऱ्यांच्यो वेगवेगळयो मागण्यो घेवन आयज पणजेच्या आझाद मैदानाचेर धरणें आंदोलन जालें.

५ दिसांचो कामाचें सप्तक लागू करचें आनी बँक कर्मचाऱ्यांक सरसकट पगारवाड मेळची ह्यो तांच्यो मुखेल मागण्यो आसात. फाटल्या कित्तेक वर्सां सावन हाचेर कांयच निर्णय घेवंक ना. तेन्ना सरकारान ह्या मागण्यांचेर दुर्लक्ष केल्यार येता त्या २८ ते ३० सप्टेंबर मजगतीं तीन दिसांचो संप करतले अशें तांच्यांनी म्हळां.

तरीय लेगीत पस्न सुटावो करीना जाल्यार २५ ऑक्टोबरा सावन अनिश्चित काळाखातीर संप करपाची शिटकावणी युनियनाच्या प्रतिनिधींनी दिल्या.

युनायटेड फोरम ऑफ बँक युनियन्सान 28 ते 30 सप्टेंबर 2026 मजगती जाहीर केलो तीन दिसांचो देशव्यापी बँक संप आणि त्याआधी येवपी 26 व 27 सप्टेंबरच्या सुट्टयो लक्षात घेऊन, नागरिकांच्या बँकिंग गरजांची पूर्तता सुनिश्चित करपाक भोवशीक बँको आयतारा 27 सप्टेंबराक सदचे प्रमाण कामकाज करतल्यो. भारतीय रिझर्व्ह बँकेन 27 तारखेक सगळयो बँक फाटे, कार्यालयां एटीएम-संलग्न शाखा आणि करन्सी चेस्ट पूरायपणान कार्यरत दवरपाक मंजुरी दिल्या.

आंतर-राज्य समन्वय, आपत्कालीन प्रतिसाद घटमूट करपाच्या उद्देशान १ ऑक्टोबराक गोंय , महाराष्ट्र आनी कर्नाटकात चक्रीवादळ आनी ताका लागून जावपी संकटां बाबतीतच्या भोव -राज्यस्तरावेल्या सराव मोहिमेंत वांटेकार जातले.

हो सराव 'राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरणा वतीन जातलो. हो सराव २१ सप्टेंबराक जाल्ल्या रोजी झालेल्या अभिमुखता आनी समन्वय परिषदेनं उपरांत आयोजित केला. हो सराव २८ सप्टेंबराक गोंयच्या सचिवालयांत जातलो.

गोंयच्या उत्तर, दक्षिण आनी कुशावती जिल्ह्यांतल्या जायत्या सुवातीं सयत गोंय, कर्नाटक आनी महाराष्ट्रांतल्या 24 सुवातींचो ह्या सरावांचो आस्पाव आसा.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सा पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' हूया मंत्रान आनी अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आनी सुशासनाच्या हूयाच दृष्टिकोनांतल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हें उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक यत्न करता. सर्वसमावेशक उदरगत आनी सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमांतल्यान ही निष्ठा लोकांची जीण बदलता. आयच्या आमच्या खासा माळेंत, 'पीएम स्वनिधी' येवजणे वरवीं ही संकल्पना प्रत्यक्षात कशी हाडली हाचे एक उधारण आमीं तुमच्या मुखार मांडता. अठ्ठ्यात्तर लाखांपरस अधिक पथविक्रेते | १८,हजार कोटी रुपयां परस चड रिण वितरण २०२० त सुरू जाल्या 'पीएम स्वनिधी' येवजणेंतल्यान पथविक्रेत्यांक – ज्यां पैकी खुप जाणांचो कसलोच औपचारिक पत-इतिहास नाशिल्लो वा तो खूब मर्यादित आशिल्लो, तो विनातारण खेळत्या भांडवला खातीर रिण उपलब्ध करून दिवन औपचारिक आर्थिक प्रणालीकडेन जोडले.

तांचो औपचारिक आर्थिक इतिहास घडोवप, वेवसाय वाडोवप आनी उद्देगाचो विस्तार करप हूया उद्देशान हे model तयार केल्लें. ऑगस्ट २०२६ मेरेन, अठ्ठ्यात्तर लाखांपरस चड विक्रेत्यांनी १९ हजार एकशें एक्क्यात्तर कोटी रुपया मूल्यांची १.१८ कोटीं परस चड रिणां घेतलीं . रिण परतफे डीची पद्धत हीच मुळांत उद्योगाच्या प्रगतीची एक पावल थारलां.. डिजिटल तंत्रगिज्ञानाचो स्वीकार हो लेगीत औपचारिक अर्थव्यवस्थे कडे जोड पाचो आनीक एक मार्ग थारला.

विक्रेत्यांनी आठशें पंच्यात्तर कोटींपरस अदीक डिजिटल वेव्हार केल्यात आनी मे २०२६ मेरेन तांका ४१२ कोटी रुपयांचो 'कॅशबॅक' मेळळा. स्वनिधी' येवजण विक्रेत्यांक पत-सुविधा, डिजिटल क्षमता आनी विकासाचो मार्ग उपलब्ध करून दिवन तांका मान्यताय प्राप्त पथ-उद्देजक' म्हणून घडयता.

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांत गोंय, महाराष्ट्र आनी रायलासीमांत वीज आनी वारया सयत वादळी वारे व्हावपाची शक्यताय आसा.